*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*सरकारी पत्रक*

**विधीकार दीस मनयलो**

ता. 9 जानेवारी 2020

गोंय विधीकार मंचान आयज विधीकार दीस मनयलो. पर्वरी विधानसभा प्रकल्पात जाल्ल्या विधीकार दीस कार्यक्रमाक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, सभापती श्री. राजेश पाटणेकर, उपसभापती श्री. इजिदोर फर्नांडिस, विधीमंडळ वेव्हार मंत्री श्री. माविन गुदिन्हो, विरोधी नेते श्री. दिगंबर कामत, विधीकार मंचाचे उपाध्यक्ष श्री. विक्टर फर्नांडिस, सचिव श्री. मोहन आमशेकार, खजिनदार श्री. सदानंद मळीक, विधीकार मंडळाचे हेर वांगडी आनी आमदार हजर आशिल्ले.

विधीकार दीस कार्यक्रमाक उलयताना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी विधीकार मंच आनी आदले आमदार सरकाराक प्रेरणा आनी मार्गदर्शक आशिल्ल्याचे सांगून तांचे कडल्यान सरकाराक सदाच मेळपी सहकार्या खातीर तांचे अभिनंदन केले. विधीमंडळ वा मंत्रीमंडळ अनेक निर्णय घेता आनी समाजाखातीर जापसालदार आसा. अनेक आमदार माध्यमांतल्यान आपले विचार आनी मतां मांडटात. लोकांचे प्रस्न सरकाराच्या लक्षात हांडून दिवपाचे काम करतात. सरकार सदाच तांच्या सुचोवण्यांक मान दिता, अशें मुख्यमंत्र्यान म्हणले.

मुख्यमंत्र्यान विधीमंडळाच्या वावराची तुस्त करून विधीकारांक आपले विचार आनी सुचोवण्यों योग्य तरेन मांडपाक माची उपलब्ध करून दिवपा खातीर देशभरातल्या विधीकारांक आमंत्रीत करून राष्ट्रीय पावंड्याचेर विधीकांर मंच परिशद आयोजीत करपाची सुचोवणी केली.

विधीकार दीस कार्यक्रमात वांगड्यांनी एकमतान म्हादय बचाव थाराव घेतलो. सभापती श्री. राजेश पाटणेकर, उपसभापती श्री. इजिदोर फर्नांडिस, विधीमंडळ वेव्हार मंत्री श्री. माविन गुदिन्हो, विरोधी नेते श्री. दिगंबर कामत हांणीय ह्या वेळार आपले विचार मांडले.

आदले आमदार श्री. गोपाळराव मयेकर आनी श्री. गजानन रायकार हांचो ह्या वेळार सत्कार केलो.

नामनेचे बरोवपी आनी स्तंभलेखक श्री. रतन शारदा हांचे मुखेल उलवप जाले.

श्री. मोहन आमशेकार हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले जाल्यार श्री. फर्नांडिस हांणी उपकार मानले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/25

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA